नमस्कार आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date :28/05/2025 6.30 PM

राष्ट्रीय खबरो

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यांसावन दोन दिसांच्या सिक्किम, अस्तंत बंगाल, बिहार आनी उत्तर प्रदेशांत भोंवडेर वतले. ह्या भेटी वेळार ते 70 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले आनी काय प्रकल्प राष्ट्राक समर्पीत करतले. सिक्किम भेटी वेळार प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी "सिक्किम@50:" कार्यावळींत वांटेकार जातले उपरांत . ते अस्तंत बंगालांतल्या अलीपुरद्वार आनी कूचबिहार जिल्हयांत शार वायू वितरण प्रकल्पाचो बुन्याद घालतले. फाल्यां सांजे ते पाटनातल्या जयप्रकाश नारायण आंतरराष्ट्रीय विमानतळाच्या नव्या टर्मिनल इमारतीचें उक्तावण करतले. 30 मे दिसा प्रधानमंत्री रोहतास जिल्हयांतल्या बिक्रमगंजाक भेट दिवून 48,हजार 520 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले आणि काय प्रकल्पांचो बुन्यादी फातर बसयतले . प्रधानमंत्री औरंगाबाद जिल्हयांतल्या नबीनगर सुपर थर्मल पॉवर प्रकल्पाच्या दुसऱ्या टप्प्याचें उक्तावण करतले.

विदेश सचीव विक्रम मिस्त्रि हांणी आयज अमेरिकेचे उपसचीव जेफ्री केसलर हांची भेट घेतली. दोनूय देशां मदीं तंत्रगिन्यानाच्या मुखेल मळार सहकार वाडोवपाचे मार्गाचेर तशेंच वेपारी संबंद आनीक घटमूट करपा खातीर भासभास जाली .विक्रम मिसरी तीन दिसांच्या अमेरिका भेटीचेर आसात आनी ते ट्रम्प प्रशासनाच्या वरिश्ठ अधिकाऱ्यांक मेळटले.

आतंकवादाआड शून्य सहिश्णुताय हे भारताचे धोरण संवसारभर प्रतिध्वनीत जावपाक लागला. शिमे पलतडच्यान जावपी आतंकवादात पाकिस्तानांची भूमिका उक्त करपा खातीर भारताचे बहुपक्षीय शिष्टमंडळं वेगवेगळ्या देशांतल्या संवसारीक फुडारी, संसद सदस्य, थिंक टँक समाज माध्यमां आनी नागरी समाज हांचे वांगडा संवाद सादत आसात .जनता दलाचे खासदार संजय झा हांच्या फुडारपणाखाल शिष्टमंडळं आयज इंडोनेशियाची राजधानी जकार्तात पावलें. खासदार संजय झा हाणी हेंविशी सांगले की bytes 20 सेक . डीएमकेचो खासदार कनिमोझी हांच्या फुडारपणाखाला एक शिश्टमंडळ काल ग्रीसांत पावलो. ग्रीस भोंवडी सोंपतकच हें शिश्टमंडळ लॅटव्हिया आनी स्पेनाक भेट दिवन ऑपरेशन सिंदूर विशीं म्हायती दितलें. एनसीपीची खासदार सुप्रिया सुले हांच्या फुडारपणाखाल शिश्टमंडळ दक्षिण आफ्रिकेंत पावलें. कॉंग्रेसीचो खासदार शशी थरूर हाच्या फुडारपणाखाल एक शिश्टमंडळ पनामाक पावलां.

सुटकेझुजारी विनायक दामोदर सावरकर हांच्या जयंती निमतान  प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज तांकां आरगा ओपली.  हे वेळार तानी  म्हळा .bytes 20 सेक

 सावरकर हाणी स्वातंत्र्य चळवळींत दिल्ले मोलादीक योगदान तांचे धैर्य  आनी संघर्श राष्ट्र केन्नाच विसरूंक शकना अशें अशें प्रधानमंत्रीनि सोशल मिडिया पोस्टावरवी म्हणलां.

अर्थीक वेव्हार मंत्रीमंडळ समितीन 2025-26 वर्साच्या विपणन हंगामात  चवदा खरीफ पिकांखातीर किमान आधारभूत  मोल  (एमएसपी) वाडोवपाक मान्यताय दिल्या. शेतकारांक तांच्या उत्पादनाक फावो तें मोल मेळचें हे खातीर सरकारान एमएसपी वाडयलां आशे नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें.

सर्वोच्च न्यायालयाच्या कॉलेजीयमान राजस्थान, त्रिपुरा, झारखंड आनी मद्रास उच्च न्यायालयांतल्या मुखेल न्यायाधीशांची बदली करपाची शिफारस केल्या. ह्या कॉलेजीयमाचे मुखेली भारताचे मुखेल न्यायाधीश बी आर गावई आशिल्ले.

भारतीय नौदळ , नाविका  सागर परिक्रमा दोनच्या यशस्वी भोंवडेर आशिल्या लेफ्टनंट कमांडर रुपा ए आनी लेफ्टनंट कमांडर दिलना के हांच्या फुडारपणाखाल आयएनएसव्ही तारिनीच्या पंगडाक फाल्या येवकार दिवपाक तयार रावला  . आयएनएसव्ही तारिनी  फाल्या 29 मे  दिसा गोंयांत पावतली . आयएनएसव्ही तारिनीन  चार खंड, तीन  खंड समुद्र आणि तीन ग्रेट केप खंडांतल्यान 25,400 नॅनोमीटरांचो आठ म्हयन्यांचो प्रवास पुराय केला  .

2 ऑक्टोबर 2024 दिसा गोंयच्यान सुरू  जाल्ली ही भोंवडी भारताच्या दर्यावेल्या भावनांचें आनी नारी शक्ती कडेन आशिल्ल्या वचनबद्धतेचें प्रतीक आसा. संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग मुरगाव बंदरांत जावपी  सुवाळ्याची येजमानकी चलयतले .

तमिळनाडूंतल्या चार राज्यसभेच्या  जाग्यां खातीर द्रविडा मुनेत्र कळघम म्हळयार डीएमकेन  चार उमेदवार जाहीर केल्यात. तमिळनाडूंत चार जाग्यांखातीर  19 जून दिसा वेंचणूक जावपाची आसा. डीएमकेचे मुखेली आनी मुख्यमंत्री एम.के.स्टालिन हांणी उमेदवारांचीं नांवां जाहीर केल्यांत. तातूंत पी विल्सन, एस आर सिवलिंगम, रुकैया मलिक आनी कमल हासन हांचो आस्पाव जाता.

फाटल्या तीन दिसांत महाराष्ट्रांत पडिल्या उटांगराच्या पावसाक लागून आठ जाणांक मरण आयलें आनी जायत्या जिल्ह्यांनी पिकावळीचे लुकसान जाला . मजगती महाराष्ट्रांचे मुखेलमंत्री देवेंद्र फडणवीस हाणी मरण आयिल्याच्या कुटुंबांक बेगोबेग मजत जाहीर केल्या तशेच पिकावळीच्या  लुकसानीचे मुल्यांकन करून भरपाय दिवपाचे निर्देश प्रशासनाक दिल्यात.

भारतिय  हवामान खात्यान फाल्यां आसाम, मेघालय, कर्नाटक, केरळ, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा, तमिळनाडू, पुडुचेरीत उटांगराचो  पावस पडपाचो अदमास उक्तायला . तशेच उत्तराखंड, बिहार, छत्तीसगड, आंध्र प्रदेश, झारखंड, कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, विदर्भात चड  पावस पडपाची शक्यताय imdn उक्तायला .

भारतच्या कनिश्ट बायलां हॉकीं पंगडान शूटआउटांत फेरयेत यजमान आर्जेन्टिनाचेर 2आड 0 अशे जैत जोडले

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर